प्रादेशिक खबरो

01.04.2025 @ 7.25 am

80

राज्यांतल्यो सहकारी संस्था एकाच पाख्याखाला हाडून सिंगल एप पोर्टल लिंकावरवीं गोंय राज्य सहकारी संस्थेकडेन संलग्न करून संस्थांचो वेव्हार सामको पारदर्शक करतले तशेंच रिणांचो परतावो फावो तें पध्दतीन जावचो हें खातीरय खाशेलें लक्ष दितले अशें मुखेलमंत्री दो.प्रमोद सावंत हाणी सांगलें.नाव्हेलीच्या सत्तरी मल्टिपरपज कोअपरेटिव्ह सोसायटिच्या १४ व्या फांट्याच्या उक्तावण सुवाळ्यांत मुखेलमंत्री उलयताले.व्हिजन दवरून काम करतना सहकाराच्या माध्यमांतलयान समुह शेतीचो प्रयोग सुरू करपाखातीर स्टार्ट अपच्या लोकांक वांगडा घेवन वेगवेगळ्या वेवसायांत योगदान दियत सहकार माध्यमांत समृध्दी हाडची अशें आश्वासन मुखेल मंत्र्यांनी केलें.

77

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खातें,गोंय सरकार राज्य पावंड्या वयली एड.फिल्म आनी रील तयार करपाची सर्त आयोजीत केल्या.एड.फिल्म आनी रील मेकिंगाक "गिरायक म्हळ्यार हक्क आनी जापसालदारकी"असो हें सर्तिचो विशय आसा.गोंय मनोरंजन सोसायटी ही सर्त चालीक लावपी संस्था आसतली.नोंदणी अर्ज सादर करपाची निमणी तारीक १४एप्रील २०२५ आसा.आनी चित्रपट सादर करपाची निमणी तारीक ५मे २०२५ आसा.ईयस जी कचेरींत सकाळी १० तें सांजवेळां५ वरांमेरेन अर्ज सादर करपाची वेळ आसा.अदीक म्हायतिखातीर www.esg.co.in संकेतथळाचेर भेट दीवचीअशेंगोवा मनोरंजन सोसायटिच्यामुखेल कार्यकारी अधिकार्यांनी कळीत केलां.

180

फाटल्या चार वर्सांत रस्तार भीक मागपी 75 ल्हान भुरग्यांची सुटका केल्या आनी तांका अपना घरांत धाडल्यांत. कांय जाणांक दुसरे राज्यांत तांचे मुळ गावांत धाडून तांचे कुटुंबाच्या ताब्यांत दिल्यात. 2024त सगळ्यांत चड 40 भुरग्यांची सोडवणूक केल्या, अशी म्हायती बायल आनी भुरगीं उदरगत खात्यान दिल्या. विधानसभेच्या पटलार लेखी जाप दितना बायल आनी भुरगीं उदरगत मंत्री विश्वजीत राणे हांणी ही म्हायती दिली.राज्यांतल्या विंगड विंगड भीक मागपाचे सुवातेर उत्तर आनी दक्षीण गोंयच्या जिल्लो भुरगी संरक्षण युनीटान भुरगीं कल्याण समिती, भुरगीं हक्काचे संरक्षणा खातीर गोंय राज्य आयोग आनी पुलिसांच्या मजतीन खुबशे जोड मोहीम हातांत घेतल्या. भुरगीं हॅल्पनायन ही सरकारांत विलीन करून हे 24 वरां हेल्पलायनीचेर भुरगीं भिक मागपाची प्रकरणां नोंद जाता आनी कर्मचारी रोखडीच ताची दखल घेता. भुरग्यांची सोडवणूक जाले उपरांत तांची भलयाकी आनी सुरक्षा निश्चित करपा खातीर भुरग्यांची जिल्लो इस्पितळात वैजकी चांचणी जाता. भुरगीं कल्याण समितीच्या आदेशा उपरांत तांका अपना घरांत धाडटात. काय प्रकरणांत भुरग्यांक तांचे मुळ गावांत धाडटात आनी गरज पडल्यार तांकां आपले कुटुंबा बरोबर परत मेळोवन दितात. भुरग्यांक तांचे मुळ गावांत धाडले उपरांत तांचे पुर्वसन आनी जीर्णाध्दार जावचो म्हूण भुरगीं कल्याण समिती हे प्रकरण त्या भुरग्यांच्या मुळ गांवच्या संबंधित भुरगीं कल्याण समिती कडेन धाडटा.

हवामान 140

हवामान खात्यान तीन एप्रील मेरेन पावसा खातीर येलो एलर्ट जारी केला.हवामानांत जाल्ल्या बदलाक लागून फुडले चार दीस पावस पडपाची शक्यताय आसा. दमट हवामान जाल आनी ऊब मारता. २० मार्च मेरेन तापमान वाडीचो येलो एलर्ट आशिल्लो. मात अचकित हवामानांत बदल जालो आनी ह्या दिसांनी खुपशा वाठारांनी पावस झडला. वराक ३०ते ४०किमी गतीन खुबश्या वाठारानी वारो मारपाची शक्यताय वेधशाळेन उक्तायली. काल राती उबाळो खूप वाडीलो आनी खुपशा वठरानी पावस पडलो

अंदूं एप्रिल ते जून मेरेन देशांतल्या चडशा वाठारांनी सरासरी परस चड तापमान आसतलें असो अदमास भारत हवामान खात्यान दिला. ह्या काळांत चडशा प्रदेशांनीय उण्यांत उणें तापमान सरासरी परस चड उरतलें अशें आयएमडीचे सरसंचालक मृत्युंजय महापात्रा हांणी सांगलें. उत्तर आनी उदेंत भारत, मध्य भारत आनी वायव्य भारतांतल्या चडशा वाठारांनी एप्रिल ते जून ह्या काळांत सामान्या परस दोन ते चार दीस चड उश्णताय ल्हारां येवपाची शक्यताय आसा अशें तांणी सांगलें. सादारणपणान एप्रिल ते जून ह्या काळांत भारतांत चार ते सात दीस उश्णताय ल्हारांचो नोंद जाता अशें ताणी म्हळा .

स्पोर्ट्स 50

आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमार मुंबय इंडियन्सान कोलकाता नाइट रायडर्सांक 8 विकेटींनी हारयले. मुंबयन इंडियन्सान 12.5 षटकांत 117 धांवड्यांचें लक्ष्य सहजपणान साध्य केलें आनी फक्त दोन विकेटी वगडावन 121 धांवड्यो केल्यो. मुंबयचो सलामीवीर रायन रिकलटनान एकेचाळीस चेंडूत नाबाद बासशठ धांवड्यो केल्यो जाल्यार सूर्यकुमार यादवान सत्तावीस धांवड्यो काडल्यो.